नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो दिता.

Date : 03/09/25

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सेमीकॉन इंडिया 2025 च्या दुसऱ्या दिसा आयज सेमिकंडक्टर मळावेल्या तज्ञांवांगडा भासाभास केली. तशेच ताणी प्रदर्शनाक भेट दिवन सेमिकंडक्टर संबंदीत वेगवेगळीं उत्पादनां आनी प्रकल्प पळयले. ह्या वेळार इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णवूय हाजीर आशिल्ले. उपरांत प्रधानमंत्री मोदी हाणी सेमीकॉन इंडियाच्या मुखेल कार्यकारी अधिकारीच्या गोलमेज परिशदेंत वांटो घेतलो . ह्या परिशदेंत संवसारभरांतल्या उद्देग फुडाऱ्यांक एकठांय हाडून भारताची सेमिकंडक्टर पर्यावरण यंत्रणा , ताची वाड आनी उदरगतीचेर चर्चा जाली.

जीएसटी काउन्सिलाची 56वी बसका आयज नवी दिल्लींत सुरू जाली. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हे दोन दिसांचे बसकेची येजमानकी चालयतात. हे परिशदेंत भारताच्या फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां विशीं चर्चा जावपाची आस्त आसा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणीय हे बसकेक उपस्थिती लायली.. केंद्र सरकारान प्रस्तावीत केल्ल्या जीएसटी सुदारणांक आपलो पक्ष आदार दितलो अशेआंध्र प्रदेशाचो अर्थमंत्रांनी सांगलें. ह्या सुदारणांक लागून देशाची अर्थवेवस्थाय वाडटली अशें ताणी मुखार सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फाटल्या म्हयन्यांत स्वातंत्र्य दिसा दिल्ल्या भाशणांत माल आनी सेवा कराचो देशाक कसो लाव जाला हाचेर भर दिला.(बयतेस२४ सेक)

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. S जयशंकर हानी आयज नवी दिल्लींत जर्मन विदेश मंत्री जोहान डेव्हिड वेडफुल वांगडा भारत-जर्मन सहकार्य आनी युरोपीय संघटनेकडेन संबंधांविशी फळादिक भासाभास केली. .(बयतेस33 सेक)

रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी आयज नवी दिल्लींत टिकावू राष्ट्रीय म्हामार्ग उदरगतीखातीर अभिनव धोरणात्मक हस्तक्षेप ह्या विशयाचेर जाल्ला कार्यशाळेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. नेटान वाडपी शारी वाठारांनी गर्दी उणी करपाचेर खासा लक्ष केंद्रीत करून संवसारीक दर्ज्याची, टिकावू आनी फुडाराखातीर मुळावी येरादारी बांदावळ तयार करपाची सरकाराची वचनबद्धतायेचेर कार्यशाळेंत उजवाड घालो. शाराच्या मध्यभागांतल्यान येरादारी वळोवपा खातीर रिंग रोड आनी बायपास बांदपपासयत वेगवेगळ्या अभिनव धोरणात्मक हस्तक्षेपां विशीं मानेस्तांनी चर्चा केली, जाका लागून शारी राष्ट्रीय म्हामार्गांचेर गर्दी उणी जातली.

नागरी विमानन मंत्रालयान आंतरराष्ट्रीय नागरी विमान संघटने आनी युरोपीय संघटनेच्या जोडपाल्वान भारता खातीर टिकावू विमान इंधन कार्यक्षमताय अहवाल चालिक लायलो. SAF अहवाल हो विमान वाहतूक मळाक कार्बनमुक्त करपाखातीरचो एक वेव्हारीक आनी तात्काळ उपाय आसा अशें केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू सांगले .SAF कार्यक्षमताय अहवाल हो भारतांत घटमूट SAF  पर्यावरण यंत्रणा तयार करपा खातीर म्हत्वाचें पावल आसा.

केंद्र सरकार ओपीडी सेवां वयल्यान प्रोत्साहनात्मक आणि प्रतिबंधात्मक भलायकीसेवाकडे लक्ष केंद्रित करता अशे भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव हांणी सांगलें.राष्ट्रीय आयुश मोहिमेच्या विभागीय शिखर सभेंत ते उलयताले. सुमार 12 हजार 500 आयुषमान आरोग्य मंदिरांची स्थापणूक केल्ल्यान ओपीडी आदारीत उपचारा वयल्यान भलायकी जतनाय घेवपाच्या समग्र मॉडेलाचेर लक्ष केंद्रीत केलां, जें प्रतिबंध आनी प्रसाराचेर भर दिता .ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखेक आयुर्वेद दिस मनयतले.. सगल्या राज्यांनी  आनी संघराज्यांनी  सक्रीयपणान वांटो घेवन आयुर्वेदाचो मुळावो संदेश भौसामेरेन पावोवपाचें आवाहन तांणी केलें.

केंद्रीय भलायकी मंत्रालय नव्या वखदां आनी क्लिनीकल चांचण्यो नेम, 2019 त दुरुस्ती करतलें, ताका लागून चांचणी परवाने मेळवप, जैव उपलब्धताय आनी जैव समतुल्यताय अभ्यासा संबंदीत अर्ज सादर  करपाची आवश्यकताय आनी प्रक्रिया सोपी जातली.प्रस्तावीत दुरुस्ती खाला सद्याची चांचणी परवान्याची पद्दत अधिसुचोवणी आनी म्हायती प्रणालींत रुपांतरीत केल्या.

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, पंजाब आनी हरियाणात उटागराच्या पावसाखातीर रेड अलर्ट जारी केला. तशेच देशाच्या उदेंत भागांत, झारखंड, ओडिशा आनी छत्तीसगडांत चड पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां.

बिहारांत दादल्यांच्या आशिया कप हॉकी सर्तीच्यो सुपर फोर खेळाक आयजसावन सुरूवात जाता. भारतीय पंगड आयज सांजें  7.30 वरांचेर राजगीर आंतरराष्ट्रीय मैदानार कोरिया पंगडाआड पयली सुपर फोर मॅच खेळटलो.

भारताचो युकी भांबरी आनी ताचो न्यूझीलंडचो भागीदार मायकल व्हीनस हांणी अमेरिकन ओपन 2025 सर्तींत दादल्यांच्या डबल्स क्वार्टर फायनल जिखली.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर